# GOA UNIVERSITY
## DEPARTMENT OF KONKANI
## Syllabus of M.A Programme in Konkani

**Purpose**

Goa University is the only University in India that offers a masters programme in Konkani language and literature

This programmed has been designed to equip the students with a critical and modern approach to Konkani language and Literature to become masters of Konkani language which is one of the important languages of Indian cultural expression. It lays equal emphasis on theory and application. It also aims at preparing the students

**Credits (4)**

The instructional scheme for M.A in Konkani is based on a system of time integrated units called credits. A student shall be eligible for the award of Masters Degree on successful completion of 80 credits in a minimum of four semesters

**Course pattern**

The Department offers two categories of courses: Compulsory and Optional.

Each student is required to have 40 Credits of Compulsory Courses, each Compulsory Course carries four credits each and there are Ten Compulsory Course papers.

In addition to this there are ten Optional Courses. These credits may be obtained from the Optional Courses within the Department or from any other Department / Recognized Institution.

However the student must obtain a minimum of 32 credits from the Department in order to be awarded the Masters Degree.

As per current rules of the University, the 20 credits of Optional Courses may also be opted from other Universities/recognized Research Institutes in India approved by Goa University.

Currently the Department has Optional Courses that are two and four credits.

**Number of semesters, how the courses are distributed.**

**Assessment**

There are four Semesters, and the Courses are distributed among each of the Semester.

The Department follows a system of internal assessment. A Student would undergo continuous Intra- Semester Assessment (ISA) as well as semester –End assessment (SEA) for each course.

# M.A KONKANI
# LIST OF COURSES

## Compulsory Courses

| Paper Code | Name of the Paper | Credits | Page Number |
|---|---|---|---|
| KKC-101 | Linguistic Study of Konkani | 4 | |
| KKC-102 | A Study of Old Konkani Literature (16th -17th century) | 4 | |
| KKC-103 | Indian Poetics | 4 | |
| KKC-104 | Indian Literature | 4 | |
| KKC-105 | Special Study of the Writings of Shenoi Goembab | 4 | |
| KKC-301 | Modern Konkani Prose | 4 | |
| KKC-302 | Issues in Language contact and Multilingualism | 4 | |
| KKC-303 | Sociological Study of Literature | 4 | |
| KKC-304 | Western Poetics | 4 | |
| KKC-305 | Special Study of Konkani Novels | 4 | |

## Optional Courses

| Paper Code | Name of the Paper | Credits | Page Number |
|---|---|---|---|
| KKO-201 | Konkani Media | 2 | |
| KKO-202 | Film Study | 2 | |
| KKO-203 | Konkani Language Movement | 4 | |
| KKO-204 | Research Methodology | 4 | |
| KKO-205 | Translation : Theory and Practice | 4 | |
| KKO-206 | Feminist Literature | 4 | |
| KKO-207 | Konkani Literature from Kerala : A Special Study | 2 | |
| KKO-208 | Konkani Literature from | 2 | |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | Karnataka | | |
| KKO-401 | Konkani Folklore | 4 | |
| KKO-402 | Functional Konkani w.r.t printing & editing | 2 | |
| KKO-403 | Literary Konkani & makers of Literary Konkani | 2 | |
| KKO-404 | Modern Konkani Poetry | 4 | |
| KKO-405 | Creative Writings | 2 | |
| KKO-407 | Konkani Tiatro | 2 | |
| KKO-408 | Gramin Sahitya | 2 | |
| KKO-409 | Critics & Criticism | 4 | |

# SEMESTER-I

## KKC-101 ( 4 Credits )

### **कोंकणीचो भासविज्ञानीक अभ्यास**

Linguistic Study of Konkani

ह्य अभ्यासक्रमांतल्यान विद्यार्थ्यांक भासविज्ञानाची मुळावी वळख जावची आनी कोंकणीचो भासविज्ञानीक अभ्यास करपाची नदर मेळची .सगळ्या विशयांक कोंकणीचो संदर्भ आसचो.

**१) भास आनी भासविज्ञान** (15 hrs.)

-- भास म्हळ्यार कितें : भाशेचीं मुळावीं खाशेलेपणां

-- भासविज्ञान म्हळ्यार कितें

-- भासविज्ञान आनी पारंपरीक व्याकरण : सारकेपणां आनी वेगळेपणां

-- भासविज्ञानाचो आर्विल्लो इतिहास

-- तुलनात्मक वांडम् यविद्या

-- रचणुकी भासविज्ञान (सोस्यूर,सपीर, ब्लूमफिल्ड)

-- व्युत्पादक भासविज्ञान (च्यॉमस्की)

- भासविज्ञानाचे वापर.

**२) भासविज्ञानाचीं मुखेल आंगां.** (15 hrs.)

-- स्वनविज्ञान('नाद' आनी 'स्वन', स्वन निर्मणेची प्रक्रिया ; स्वर आनी व्यंजनः उच्चारण आनी वर्णन ; अक्षर)

-- अर्थविज्ञान( अर्थ म्हळ्यार कितें; ; अर्थाच्यो सात तरा ; उतरां भितल्लीं अर्थाचीं नातीं ; घटक विस्कटावणी )

- व्याकरण-विचार

-- स्वनीम -विचार (स्वनीम, स्वन, वांगडी -स्वन)

-- पद -विचार ( रुपीम,रुपिका, वांगडी -रुपीका ;उतर घडणुकेच्यो प्रक्रिया ( Inflection आनी Derivation );

उतराचे बांदावळीक धरून भासांचें वर्गीकरण)

-- वाक्य-विचार ( कोंकणी वाक्यांत उतरांचो सभावीक क्रम : कोंकणी SOV भास; क्रियापद नाशिल्लीं वाक्यां)

**३. इतिहासीक भासविज्ञान आनी समाजभासविज्ञान** (15 hrs.)

-- भास -बदलाच्यो प्रक्रिया ( नाद -बदल, उश्णो-वेव्हार, नेमीकरण)

-- इतिहासीक भासविज्ञानाच्यो वावरा पद्द्ती ( तुलनात्मक पद्दत, एकभाशीक पुनर्रचणूक , बोली भुगोल , भाशीक काळनिर्णय)

-- भास आनी समाज : नातें.

-- समाजभासविज्ञान आनी भाशेचें समाजशास्त्र.

-- भास आनी बोली ( इतिहासीक, समाजीक, भुगोलीक)

**४. कांय म्हत्वाचे मुद्दे** (15 hrs.)

-- 'व्यक्ती - बोली', 'आवय - भास ' आनी ' भाशीक -समाज' : संकल्पना.

-- भास आनी लिपी , लिपी आनी बरपाचे नेम

-- भाशे -कूळ ( संकल्पना, भारतांतलीं भाशे -कुळां ; कोंकणीचें भाशे -कूळ )

--- भाशीक वाटार (संकल्पना ;भारताच्या संदर्भांत अभ्यास )

**संदर्भ वळेरीः**


१) *भासाभास* - माधवी सरदेसाय, जाग प्रकाशन, १९९३.

२. *भाशाविज्ञान* - भालचंद्र गांवकार, मित्र प्रकाशन . १९९३.

३. *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय* - संपा. श्याम वेरेंकार आनी हेर, कोंकणी भाशा मंडळ, २००३,
मुखेलपणान सकल दिल्ले लेखः १, २, ३, ५ ,६, ,७ ,८ ,१० ,१२, १३, १४.

४. *कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ* - शणै गोंयबाब , मुंबय ,गोमन्तक छापखानो , १९४९.

५. *The Formation of Konkani* - S.M.Katre, Pune , Deccan College, 1966.

६. *A Description of Konkani* - Mathew Almeida, T.S.K.K., 1989.

७. *General Linguistics* : *An Introductory Survey* - R.H.Robins, Longman (1964) 1980.

८. A Study of Language - George Yule , 1999.

९. *वर्णनात्मक भाषाविज्ञान* - लीला गोविलकर , पुणेः आरती प्रकाशन, १९९२.

१०. *आधुनिक भाषाविज्ञान : सिद्धांत आणि उपयोजन* - मिलिंद मालशे, लोकवाडमय गृह, १९९५.

११. *भाषाविज्ञान* - भोलानाथ तिवारी, किताब महल, ( १९५१ ) १९९१.

१२. *ऩविन भाषाविज्ञान* - तिलक सिंह, नई दिल्ली : प्रकाशन संस्थान १९८५.

KKC-102 ( 4 Credits )

पुर्विल्लें कोंकणी साहित्य- एक अभ्यास

**A Study of Old Konkani Literature ( 16th-17th Century)**

**१) सतराव्या शेंकड्यांतल्या साहित्याची फाटभूंयः** (15 hrs.)

- हेर भारतीय भासांचे तुळेन कोंकणी साहित्यीक वावराची सुरवात आनी विकास.
- कोंकणीच्या संदर्भांत छापणावळीची सुरवात.
- पयलीं वयलीं छापील पुस्तकां आनी तांचे स्वरूप.

**२) कोंकणी महाभारत आनी रामायणाचो भाशीक आनी साहित्यीक अभ्यासः** (15 hrs.)

अ) *सोळाव्या शेंकड्या आदलें कोंकणी रामायण* - संपा. ओलिव्हीन्यु गॉमिश

ब) *सोळाव्या शेकड्यांतलें कोंकणी म्हाभारत : आदि पर्व* - संपा. प्रताप नायक

- तत्कालीन गोंयची भास, तिचेर हेर भासांचो प्रभाव, थळावे संदर्भ, कोंकणी लोकवेदांत ह्या काणयांचें म्हत्व आनी खाशेलेंपण हांचेर भर दिवची.

**३. सतराव्या शेकड्यांतल्या वेंचीक साहित्याचो अभ्यास :** (15 hrs.)

अ) *सांतु आंतोनीचीं अचर्यां* - आंतोनियु द साल्दान्य

आ) *वनवळ्यांचो मळो* - मिगेल द आल्मेद

- तत्कालीन गोंयची भास, तिचेर हेर भासांचो प्रभाव, थळावे उल्लेख, साहित्याचो प्रकार, व्यक्तिचित्रण, क्रिस्ती धर्मीक तत्वगिन्यान हांचेर भर दिवची.

**४. सतराव्या शेंकड्यांतलो हेर भाशीक आनी साहित्यीक वावर :** (15 hrs.)

- फ्रेय गास्पार द सां मिगेल, थॉमस स्टिफन्स, दियोग रिबैर, जुवांव द पेद्रोज, आमादोर द सांत आना हांच्या योगदानाची वळख जावची.

**संदर्भ वळेरी :**


१) ***१७ व्या शतकातील गोमंतकी बोली*** - डॉ. वि. बा. प्रभुदेसाई.

२) ***सांतु आंतोनिचीं अचर्यां*** - संपा. अ. का. प्रियोळकार.

***३) दोत्रिना क्रिस्तां*** - संपा. अ .का. प्रियोळकर.

***४) Old Konkani Language & Literature : The Portuguese Role - Prof.*** O. J .F. Gomes.

५) ***History of Konkani Literature -*** Dr. Manohar Rai Sardessai.

६) ***Konkani Manasgangotri :*** *An Anthology of Early Konkani Literature* **-** Ed. Prof. O.J.F .Gomes.

७) ***Makers of Konkani Literature -*** Antonio Periera.

८) ***The Formation of Konkani*** - Dr. S. M. Katre.

**KKC-103 ( 4 Credits)**

**भारतीय काव्यशास्त्र**

Indian Poetics

I. १. काव्य म्हळ्यार कितें? व्याख्या - भारतीय अलंकारशास्त्राचे फाटभुंयेर (15 hrs.)

काव्याचीं लक्षणां - काव्याचें प्रयोजन आनी हेत.

२. काव्य निर्मणे फाटलीं कारणां

प्रतिभा म्हळ्यार कितें? व्याख्या ,लक्षणां

३. शब्दशक्त : अभिधा, लक्षणा, व्यंजना

शब्द अर्थ : वाच्यार्थ , लक्ष्यार्थ , व्यंग्यार्थ

II. ४. रससिद्धांत : (15 hrs.)

रसाची व्याख्या आनी प्रकार- रसनिर्मणेचीं कारणां

रसास्वादाची प्रक्रिया- रस आनी साधारणीकरण

५. अलंकार : व्याख्या : प्रवर्तक, प्रकार - शब्दालंकार, अर्थालंकार.

III. ६. ध्वनिसिद्धांत - व्याख्या : प्रवर्तक , (15 hrs.)

ध्वनींचीं काव्यांतली सुवात

७. रीतीसिद्धांत - व्याख्या - रीतींचे प्रकार

IV.८ औचित्यविचार - व्याख्या, प्रकार ( 15 hrs.)

साहित्यांत औचित्याची सुवात.

**संदर्भ वळेरी**


१. ***भारतीय साहित्य विचार*** - श्री. शं. फडके

२. ***साहित्य एक भासाभास*** - भालचंद्र गांवकार

***३. भारतीय काव्य शास्त्र के सिद्धांत*** - कृष्णदेव झारी

४. ***रस सिद्धांत*** - डॉ. नगेन्द्र

५. ***भारतीय काव्य शास्त्र के प्रतिमान*** - जगदीश कौशिक

६. ***भारतीय साहित्य शास्त्र*** - गं .त्र्यं. देशपांडे

७. ***भारतीय काव्यशास्त्राची उत्क्रांती*** - वामन केशव लेले

**KKC-104 ( 4 Credits)**

**M.A Part-I**

**Indian Literature - भारतीय साहित्य**

१) भारतीय साहित्याचें स्वरूप

२) प्राचीन साहित्य : विकासात्मक स्वरूप

वेद, उपनिषद, पुराण, बौद्ध साहित्य, जैन साहित्य, अवैविक दर्शन.

३) मध्यकालीन भक्ती साहित्य

हिंदू, मुसलमान, क्रिस्तांव, सुफी...

४) वसाहतवादी भारतीय साहित्य.

पुनरजागरण -- वसाहती संपर्क : भारत -- ब्रिटीश, गोंय -- पोर्तुगेज.

नवें विचार दर्शन, तांचो प्रभाव, नव्यो साहित्यीक विधा (genres)

५) भारतीय साहित्यांत आयचो भारत : स्पश्टीकरण

६) भारतीयतेचें समाजशास्त्र

७) भारतीय साहित्यांत सामासीक-संमिश्रीत स्वरुपांत भारतीय मुल्यांची अभिव्यक्ती

८) भारतीय तुलनात्मक मानदंड : सूत्र, इतिहास.

**पाठ्यपुस्तक वळेरी :**

१. ***ब्राम्हण*** (मूळ पुर्तुगेज , मराठी अणकार )फ्रांसिश्कु लुईश ग़ॉमिश

२. ***Sorrowing Lies My Land*** ( (इंग्लिश) - Lambert Mascarenhas

३. ***आधा गांव*** (हिंदी ) - राही मासूम रजा

४. ***मातयेचो मोग*** (मूळ कन्नड , कोंकणी अणकार ) - शिवराम कारंथ

५. ***युगसांवार*** ( कोंकणी) - महाबळेश्वर सैल

६. ***चवकी*** ( मूळ मलयाळम, कोंकणी अणकार ) - एम. टी. वासुदेवन नायर

(आसायनमॅन्ट ***युगसांवार*** आनी ***चवकी*** ह्या पुस्तकांचेर दिवचो)

**संदर्भ वळेरी :**


१. ***बौद्ध धर्मावरील चार निबंध*** - दामोदर ध. कोसंबी

२. ***A History of Indian Life*** - Arthur Madonell

३. ***Influence of Islam on Indian Literature*** - Tarachand

४. ***Modern India and the West*** - L. S. O' Maley

५. ***Denationalization of Goans*** - T. B. Cunha

६. ***A Historical Essay on the Konkani Language*** - J. H. Cunha Rivara

७. ***India in Portuguese Literature*** - Ethel Da M. Pope.

KKC-105 ( 4 Credits)

शणै गोंयबाबाले बरपावळीचो खाशेलो अभ्यास

Special Study of the Writings of Shennoi Goembab

शणै गोंयबाबान कोंकणी चळवळीक वैचारीक बसका दिल्या. आर्विल्लें कोंकणी साहित्यूच न्हय तर कोंकणी भास घडोवपाच्या वावरांतूय तांगेलो म्हत्वाचो वांटो आसा. ह्या अभ्यासक्रमांत शणै गोंयबाबाल्या बरपांचो खोलायेन अभ्यास जावचो.

I. शणै गोंयबाब : व्यक्ती आनी वावर (5 hrs.)

II. शणै गोंयबाबाल्या ललीत बरपांचो चिकित्सक अभ्यास (२० hrs.)

१. *गोमन्तोपनिषत* (खंड १, २)

( भर दिवची : ह्या बरपांक 'गोमन्तोपनिषत' नांव कशें फावता; कोंकणीची तांक ह्या बरपांतल्यान कशी उकती जाल्या; 'संवसार बुट्टी'ची साहित्यीक बांदावळ , ' गोमन्तोपनिषतां'त घडपी गोंयच्या समाजाचें दर्शन)

२. चरित्रात्मक बरपां

१) *आबे फारीय*

२) *पुण्यात्मो राम कामती*

( भर दिवची : दोनूय चरित्रां मुदलांत कशीं वेगळीं ; *पुण्यात्मो राम कामती* सोद- वावराचीच एक देख कशे तरेन; दोनूय चरित्रां वरवीं बरोवपी वाचप्या मुखार कसली देख दवरूंक सोदता)

३. नाटकां

१) *मोगाचें लग्न*

२) *पोवनांचें तपलें*

३) *झिलबा राणो*

( भर दिवचीः रुपकारांत सर्जनशीळताय कशी दिसता; नाटकांतलो समाज, नाटकांतली कोंकणी भास ; पात्रचित्रणां, मुखेलपणान , बाबगो, तातुबाब, झिलबा)

III. कोंकणी भास आनी व्याकरणा विशींच्या बरपांचो अभ्यास. (20 hrs.)

१) कोंकणी विशींचीं बरपां

१) *कोंकणी भाशेंचें जैत*

२) *येवकार अध्यक्षांले उलोवप*

३) ऐन *वेळार*

(भर दिवची शणै गोंयबाबाली कोंकणी विशींची भुमिका ; कोंकणीचें प्रमाणीकरण, तिची लिपी, तिची सभावीक उतरां घडण बी विशयांच्या संदर्भांत तांगेली नदर)

२) व्याकरणीक बरपां

१) *कोंकणी नादशास्त्र*

२) *कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ*

( भर दिवची : कोंकणीची नादांचीं , व्याकरणीक खाशेलेपणां, कोंकणी-मराठीचें वेगळेपण ; कोंकणीची व्याकरणीक उतरावळ घडोवपाच्या वावरांत शणै गोंयबाबालें योगदान)

IV. गोंयच्या आनी कोंकणी मनशाच्या इतिहासाचो सोद घेवपी बरपांचो अभ्यास. (15 hrs.)

१) *गोंयकारांली गोंयाभायली वसणूक*

२) *वलिपत्तनाचो सोद*

*३)आल्बुकेर्कान गोंय कशे जिखलें*

(भर दिवची : शणै गोंयबाबाल्या इतिहासीक सोद- वावराचीं खाशेलेपणां ; ह्या वावराचे विशय आनी म्हत्वाचे तपशील.

**संदर्भ साहित्य :**

**मुळावे ग्रंथ : *समग्र शणै गोंयबाब खंड - १ ते ४,*** पणजी, गोवा कोंकणी अकादेमी २००३, २००६.

**हेर :**

***१. शणै गोंयबाब*** (भारतीय भासांचे साहित्य घडोवपी)- रा. ना.नायक, नवी दिल्लीः साहित्य अकादेमी ( १९८०) २००१.

२. ***उगडासांचे कोठये-कुडींत*** - शांताराम अमोणकार, प्रियोळः जाग प्रकाशन,२००५

३) ***युगपुरुष शणै गोंयबाब :*** *एक परिचर्चा* - (संपा.) भिकू बोमी नायक, माशेलः जैत प्रकाशन २००५

४) ***'कोंकणी नादशास्त्र*** **-** एक वळख'- माधवी सरदेसाय, जाग, ऑगस्ट, १९९५ : १५ , १६

५) **'शणै गोंयबाबाली कोंकणी** **-** अस्मिताय जागोवपी बरपावळ -माधवी सरदेसाय, जाग -जून१९९८-६ -११

६) **'शणै गोंयबाबालें कोंकणी भाशेक योगदान ' -** माधवी सरदेसाय, जाग ,नोव्हेंबर २००२ : ८-१३

७) **'कोकणीची व्याकरणीक उतरावळ आनी शणै गोंयबाब '-** माधवी सरदेसाय, जाग, जून-जुलय २००८: २-६

८) **'सात्र, कुन्या, शणै गोंयबाब '** - माधवी सरदेसाय , जाग , नोव्हेंबर २००८ : २-४.

९) ***A History of Konkani Literature*** - Manohar Rai Sardessai ,New Delhi: Sahitya

Akademi, 2000 .

**SEMESTER-II**

**KK0-201 ( 2 Credits)**

कोंकणी मिडिया - **( KONKANI MEDIA)**

१ ) **मिडिया म्हळयार कितें ?** **(२५)**

- व्यापकताय ( आयच्या संदर्भांत ) - तिचीं वेगवेगळीं माध्यमां : ; कला - ललितकला.

२ ) **रेडियो ; पत्रकारिता ; इ -पत्रकारिता** **(२५)**

- कम्प्युटर आयची गरज - कोंकणी आनी हीं माध्यमां.

३) **कोंकणी जायरात : इतिहास, आंतरशाखीय संबध.** **(१०)**

- भारतीय भासो आनी कोंकणी - टी.व्ही.चॅनल्स , जायरात -अणकार , कोंकणीचें स्वरूप , रेडियो आनी जायरात.

- शिक्षण आनी मिडिया:आयच्या संदर्भांत म्हत्व, इसरोची माहिती, तिचो उपेग, ज्ञानदर्शन- चॅनल

**DEITY Centre** **(०५)**

- संचार व्यवस्थेची क्रांती, टेलिफोन आनी मोबायल .

४) **टॅक्नीक** : रेडियो, टी.व्ही.- दृश्यश्राव्य रुपांतरण

५) **संचार माध्यमां आनी कोंकणी**

**संदर्भ वळेरी :** **( ०५)**


१) ***कोंकणी विश्वकोश*** भाग १, संपादक दो. मनोहरराय सरदेसाय,, गोंय विश्वविदयालय., १९९१

२) ***जनसंचार***-संपा.राधेश्याम शर्मा, हरियाणा साहित्य अकादेमी, चण्डीगढ , १९८८

३) ***Mass Media and You ,*** Desmond A. D' Abreo.

Bangalore: St. Paul Press Training School, 1994.

४) *My Exciting Years in Theatre and Advertising -* Alyque

Padamsee , Penguin Books.

৫) Ordinary People and the Media: The deurotic turn SALE pub, ltd, California, London, India, 2010.

6) Voice of the people : Communication for Social changes, Culture & Communication, Madras, 1990.

## KK0-202 (  2 Credits)

## FILM STUDY

**( फिल्म अध्ययन कोंकणीच्या संदर्भात )**

**१) फिल्म इतिहास : वैश्वीक मळ**

**(०५)**

- भारतीय फिल्म इतिहास
- राष्ट्रीय फिल्म
- आंतरराष्ट्रीय फिल्म
- प्रादेशीक फिल्म
- तुलनेचे संदर्भ

**२) कोंकणी फिल्म : इतिहास, स्वरुप** **(०५)**

- भारतीय फिल्मांत कोंकणीचें स्थान
- आयची स्थिती
- फाल्यांचीं आव्हानां

‘ पलतडचो मनीस ‘आनी कोंकणी फिल्माचो फुडार.

**३) IFFI चें स्वरूपः**

**(०५)**

- कोंकणी फिल्माक फायद्याचें ?
- फिल्म उद्योग आनी गोंय.
- इफ्फीचे फायदे आनी नुकसान.

**४) फिल्म अध्ययनः अवलोकन, समिक्षा, रसास्वादन.** **(१५)**

- फिल्मी कलाकार संस्कृतायेचे वाहक, सम्प्रेशक, राजदूत
- फिल्मः पटकथा, दिगदर्शन, फोटोग्राफी, संगीत, गीत

पार्श्वसंगीत (बेकग्राउंड म्युझीक) , पार्श्वगायन , फिल्म एक व्यवसाय

**संदर्भ वळेरीः**


१) *नाट्यशास्त्रः फिल्म एवं टेलीविजन परिभाषा कोश वैज्ञानीक तथा तकनीकी शब्दावली आयोग, भारत सरकार, दिल्ली-२००६*

२) हिन्दी सिनेमा का सच ( संपा.) मृत्युंजय, समकालीन सृजन , कलकत्ता 1997.

३) कोंकणी चलचित्रां - इजिदोर दान्तश , दान्तश पब्लिकेशन्स पुणे २०१०.

४) Refirmimng, Bolleywood: Theories of Popular Hindi Cinema, Ajay Gehlawat, SAGE Pub,Ltd , New Delhi, 2010

५) Beyond the Boundries of Bollywood: The moving forms of Hindi Cinema.Ed.rachel Dwyer & Terry Pinto Oxford New Delhi, 2011.

६) Untimely Bollywood, Amit S, Rai, Oxford , New Delhi, 2011.

## KKO - 203( 4 Credits )

### कोंकणी भाशीक चळवळ -Konkani Language Movement

1. **कोंकणी भाशीक वाद आनी १९ व्या शेंकड्यांतलो कोंकणी भाशीक वावर :** 20 hrs

- कोंकणीची राजकी, सांस्कृतीक आनी सामाजीक स्थिती.
- पाश्चात्य आनी भारतीय जाणकार तशेंच भाशीक अभिमान्यांनी कोंकणी भाशे विशीं मांडिल्लीं मतां.
- कुन्य रिव्हारा ( १८००-१९८९ ) एदुआर्द जुझे ब्रुन द सौज ( १९३६-१९०५) ,मों सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद ( १८००-१९०५ ) हांचो वावर.

2. **शणै गोंयबाबांचो आनी कोंकणी समर्थकांचो भाशीक दृश्टीकोण.** 10 hrs

- काका कालेलकर आनी कोंकणी -मराठी संघर्श
- शणै गोंयबाबांचे कोंकणी अस्मिताय जागोवपी बरपावळीचो अभ्यास .

3. **कोंकणी चळवळींत कोंकणी संस्थांचो वांटो ; कोंकणी भास आनी साहित्याचे उदरगतींत संस्थांची भुमीका आनी तांच्या धोरणांचो अभ्यास.** 08 hrs.

- अखिल भारतीय कोंकणी परिशद
- महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांतल्यो कोंकणी संस्था.
- कोंकणी भाशा मंडळ आनी कोंकणी सेवा केंद्रां
- कोंकणी प्रजेचो आवाज
- गोवा कोंकणी अकादेमी

-नाटक, संगीत, फिल्म आनी सांस्कृतीक मळार वावर करपी मुखेल संस्थांची वळख

4. **कोंकणीच्या जैताचे पांवडे :** 8 hrs

कोंकणीच्या आंदोलनाचो उद्देश, भूमिका, तशेंच तत्कालीन राजकी , समाजीक आनी संस्कृतीक स्थितीचे फाटभुंयेचो अभ्यास.

-जनमत कौल - साहित्य अकादेमीची मान्यताय.

- कोंकणीक राजभासेचो दर्जो - गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो

- भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आसपाव.

5. **प्रसार माध्यमां आनी कोंकणी :** 07 hrs

- कोंकणी नेमाळीं - ( पुणें, मुंबय, गोंय, मंगळूर आनी केरळ ) तांचो थोडे भितर इतिहास.
- आकाशवाणी आनी दूरदर्शन - मुंबय आनी पणजी.

6. **कोंकणी शिक्षण : कोंकणी शिक्षणाची सुरवात, कोंकणी शिक्षणाच्या प्रसारांत खाजगी आनी सरकारी संस्थांचो वांटो.** 07 hrs.

- कोंकणी प्राथमीक शिक्षणाची फाटभूंय
- माध्यमीक, उच्च माध्यमीक पांवड्यार कोंकणी शिक्षण.
- महाविद्यालयीन आनी विद्यापीठ पांवड्यार कोंकणी शिक्षण
- हेर राज्यांतली कोंकणी शिक्षणाची स्थिती.

**टीप:- अभ्यासाचो एक भाग म्हण कोंकणीच्या मुखेल वाटारांक वा संस्थांक भेटी दिवचे खातीर अभ्यास भोंवडेचें आयोजन करचें.**

**ंदर्भ वळेरी : -**

१. येवकार अध्यक्षांलें उलोवप - शणै गोंयबाब , गोमन्तक छापखानो, मोंबय, १९४७.

२ कोंकणी भाशेचें जैत - शणै गोंयबाब. गोमन्तक छापखानो , मुंबय, १९३०

३. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास - डॉ. ऑलिव्हीन्यु गोमीश, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन १९८९.

४. Literary Konkani : A Brief History - Jose Pereira, Goa Konkani Akademi

५.Old Konkani Language and Literature : The Portuguese Role - O.J.F. Gomes, Konkani Sorospot Prakashan, 1999

६. History of Konkani Literature - Dr. Manohar Sardessai Sahitya Akademi, New Delhi,2000.

७ Konkani Manasgangotri - An Anthology of Early Konkani Literature - Prof. O.J.F. Gomes, Konkani Sorospot Prakashan , 2000.

८. Konkani- A Language , A History of Konkani-Marathi Controversy Jose Pereira, Karnatak University, Dharwar, 1971.

९. The Makers of Konkani Literature - Antonio Pereira.

१०. The Formation of Konkani - S.M Katre , Deccan College, Pune, 1966.

११. The Konkan and the Konkani Language - V. P. Chavan, Asian Educational Services, New Delhi 1995.

१२. The Konkani Language and Literature - J. Gerson Da Cunha, Asian Educational Services, New Delhi, 1991

१३. पुण्यभुमी गोमंतक - काका कालेलकार, गोमंत भारती, मुंबय, १९५८.

१४ भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र - रवीन्द्र केळेकर‘ राजहंस वितरण, पणजी , २००८ ४-११.

१५. ‘‘काका कालेलकार, गोंय आनी कोंकणी मराठी संघर्श , माधवी सरदेसाय , जाग , नोव्हेंबर २०१०- जानेवारी २०११

१६. कोंकणी भाषाः प्रकृती आनी परंपरा , सु. बा कुलकर्णी, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७.

## KKC-204 ( 4 Credits)

### सोदवावर करपाची रीत

### ( Research Methodology )

I) सोदवावर संकल्पना व्याख्या आनी इतिहासिक फाटभूंय

II) विज्ञानीक आनी समाजीक शास्त्रांच्या मळावेलो सोदवावर

III) साहित्य आनी भास ह्या मळावेलो सोदवावर

IV) सोदवारांत सूचीचें म्हत्व : सूची तयार करप आनी सूचीचे प्रकार .

V) सोदवावराच्यो मोखी आनी प्रकार

सोदवावराची येवजण (Research Plan)

सोद- वावरांतली मौलीकताय आनी नवेंपण

VI) सोदवावराची प्रक्रियाः

ाास्ताविकः पूर्वतयारी-

पयलो **पांवडो**

**संदर्भ ग्रंथ ,**

**पयलो पांवडो -** म्हायती एकठांय करपाचीं साधनां - मुळावीं, मुलाखती, प्रस्नावळी, हातबरपां, वाके, सर्वेक्षण,तकटे.

**दुसरो पांवडो -** मुखेल तयारी- परिकल्पना थारावप, प्रत्यक्ष काम- एकठांय केल्ले म्हायतीचें वर्गीकरण, चिकित्सा , अर्थावणी युक्तिवाद, सोदवावराचो आराखडो - तर्कशुद्धताय - सुसंगती - शुद्धलेखन.

**तिसरो पावंडो** - पुराय म्हायतीचें संकलन- लेखन -सुधारणा आनी पर्थून लेखन

साधन सामग्री आनी संदर्भ ग्रंथाची वळेरी, तळटिपो परिशिश्टां, समारोप.

VII. मौखीक परिक्षा : स्वरुप आनी तयारी

**संदर्भ ग्रंथ :-**

१) *संशोधन पद्धती, प्रक्रिया आणि अंतरंग* - दु.. का. संत, पुणे विधार्थीगृह प्रकाशन , १९८८.

२) *शोधनिबंधाची लेखन पद्धती*- स. ग. मालशे, सुविचार प्रकाशन,मंडळ , पुणे , १९७५

३) *भाषा व साहित्य संशोधन* - संपा. व. स. जोशी.

४) *Encyclopaedia - Brittanica* , Cambridge, Social Sciences

५) *Theory of Literature* - Waller Rane, A.Warren ,Penguin Book, London, 1956.

६) *Methods in Social Research* - William Goode &Paul Hall. McGraw-Hill Kogakusha, Tokyp,1952.

७) *Research Methodology - Trivedi R, radha Publication, New Delhi, 1996.*

८) Research Methodology - Verma R , Commonwealth, Publisher, New Delhi, 1989.

## KKO 205 ( 4 Credits )

**अणकार : सिद्धांत, स्वरूप आनी उपयोजन**

## Translation : Theory and Practice

ह्या अभ्यासक्रमांत अणकाराच्या सिद्धांतांची फाटभूंय दिवन विद्यार्थ्यांकडल्यान मराठी, हिंदी आनी इंग्लीश भासांतल्यानकोंकणींत अणकार करून घेवचे. तेच प्रमाण अणकाराची समिक्षा करपा खातीर तांकां तयार करचीं.

1. अणकार: संकल्पना आनी स्वरूप - अणकार म्हळ्यार कितें ? - मूळ भास, मोख भास; छाया अणकार, भाव अणकार; स्वायत्त अणकार, परायत्त अणकार.

2. अणकाराची गरज ( संवसारीक आनी भारतीय संदर्भांत )

3. अणकाराचो इतिहास ( संवसारीक, भारतीय आनी कोंकणी )

4. अणकाराच्यो मोखी आनी साधनां

5. अणकार, रुपकार आनी अनुसर्जन

6. **अणकाराचे प्रकार :**

१) साहित्यीक अणकार ( गद्य आनी पद्य)

२) विज्ञानीक / तकनिकी अणकार

३) वेव्हारीक अणकार

४) पत्रां, परिपत्रकां, कळोवण्यो हांचे अणकार

५) जायराती, बातमीपत्रांचे अणकार.

7. **अणकारवरवीं उतरावळींत भर**

१) परिभाशीक उतरावळ

२) हेर उतरावळ

8. **अणकाराचें उपयोजन**

१) मराठी, हिंदी आनी इंग्लीश भासांतल्यान कोंकणींत अणकार.

9. **अणकाराची समिक्षा**

१) कोंकणींतल्यान हेर भासांनी गेल्ल्या आनी हेर भासांतल्यान कोंकणींत आयिल्ल्या वेंचीक अणकारीत कृतींची समिक्षा

ह्या अभ्यासक्रमांत तोंडी परिक्षे वांट्याचे धा गूण अणकार खातीर आसतले ( पळेयात : 8 ) ; अभ्यास प्रकल्प अणकाराचे समिक्षे संबंदान आसचो ( पळेयात : 9 )

60 Courses hours are to be equally divided between Theory ( 30 hours and practical Translation work ( 30 hours) French , Marathi/ Hindi English into Konkani.

**संदर्भ वळेरी :**


1) In Translation Studies, Susan Bassnett, London NY : Routledge ( 1991) 2002.

2) In Translation : Reflections , Refractions, Transformations , ed Paul St-Pierre, Prafulla C. Kar, Delhi : Pencraft International 2005.

3) Sitting Translation : History, Post- Structuralism on and the Colonial Context, Tejaswini Nirangana, Hyderabad: Orient Longman Ltd.1995.

4) " अणकार ‘‘, मुकेश थळी, जाग, दिवाळी, १९९९ ९३-९४.

5)‘ ‘ अणकार ‘‘ : आयच्या समदर्भांत एक विचार ‘‘, किरण बुडकुले, जाग, मार्च २००१ : १६ - १९.

6) " भारतांतली अणकार कार्याची अवतिकाय : कारणां आनी उपाय ‘‘, मूळ हिन्दी : अशोक रा केळेकर , अणकार :
माधवी सरदेसाय, जाग दिवाळी २००० : ९३-९४.

7) "अणकारी उश्णेपण ‘‘, माधवी सरदेसाय , जाग सप्टेंबर १९९९ : १६ - १७.

8). " अणकारी गाठवलां ’, माधवी सरदेसाय , जाग दिवाळी - नातलां २०१०.

9) " Translation Scenario of Konkani", Madhavi Sardesai ( paper presented in a National Seminar: sahitya Samvaad III' , org. by Sane Guruji Rashtriya Smarak Trust, Mumbai, published in the Seminar Proceedings : Antarvharati sahitya samvaad- III ' PP. 30-40) ,2007.

## KKO-206 ( 4 Credits )

### स्त्रीवादी साहित्य -Feminist Literature

१. **स्त्रीवाद**

(१५)

- अर्थ आनी व्याख्या

- स्त्रीवादाची इतिहासीक फाटभूंय

- स्त्रीवादाची भुमिका आनी प्रकार

- स्त्रीवादाचें बदलत वचपी स्वरूप

२. **भारतीय स्त्रीवाद** **(१५)**

- वेदीक, पुराणीक आनी मध्ययुगांतली बायल मनीस

- समाजवेवस्था आनी बायल मनीस

- आधुनीक काळांतली बायल मनीस

३. **आर्विल्ली भारतीय स्त्रीवादाची मांडणी.** **(१५)**

- धर्मीक, सांस्कृतीक, सामाजीक आनी राजकीय पांवड्यार बायल - मनशेची सुवात.

- स्त्री हक्क आनी कायदे

- भारतांतली स्त्रीमुक्ती चळवळ

- स्त्रीशिक्षण आनी बदलती विचारसरणी

४. **साहित्यांतली बायल.** **(१५)**

- भारतीय स्त्रीवादी लेखिका

- भारतीय साहित्यांत बायलांचें चित्रण

- कोंकणी कादंबरीतंलीं बायल मनीस

- दादल्याच्या मनांतली बायल- मनीस

- स्त्रीमन आनी बायल मनशेचे प्रस्न

**संदर्भ पुस्तकां:-**


१) *संदर्भ स्त्रीपुरूष,* अश्विनी धोंगडे , मधुर पब्लिकेशन , पुणे, २००३

२) *भारतीय स्त्री-जीवन- ली*ला पाटील, मेहता पब्लिशिंग हाऊस, पुणे ,१९९०

३) *स्त्रीवाद*- संपा . सुमती लांडे , श्रुती तांबे , शब्दालय प्रकाशन, श्रीरामपूर ,२००७.

४) *समीक्षेतील नव्या संकल्पना* - संपा .मनोहर जाधव, स्वरुप प्रकाशन, औरंगाबाद,

५) *स्त्री पुरुष नातेसंबंध* - संपा . सुमती लांडे शब्दालय प्रकाशन, श्री रामपूर, २००७

६) *पुरूष अनुभवातला आकलनातला* - संपा. सुमती लांडे ,शब्दालय प्रकाशन , श्री रामपूर, २०१०

७) *Feminism in India - Conversation with Indian Feminism - Sarojini Sahoo.*

## KKO - 207 (   2 Credits)

### केरळांतलें आनी कर्नाटकांतलें कोंकणी साहित्य

## Konkani Literature from Kerala : A Special Study.

**१.        केरळांतल्या कोंकणी साहित्याची इतिहासीक फाटभूंय:**

कोंकणी भाशिकांचें केरळांत स्थलांतर, कारणां आनी इतिहास.

- सुरवातेचो भाशीक आनी साहित्यीक वावर.

- कोंकणी साहित्याची आयची स्थिती.

**२.        केरळांतले गोडडें रामायण /लोकवेद ?**

इतिहासीक फाटभूंय.

- पुस्तकाचें खाशेलपण आनी तातूंतली भास.

**३.        केरळांतले भक्ती काव्य आनी भावकविता:**

- भक्ती काव्याचो इतिहास आनी स्वरूप.

- आर्. सी. शर्मा आनी के. अनन्तभट हांणी रचिल्लें भक्ती काव्य.

- आर्. एस्. भास्कर हांच्या *नक्षत्रां* आनी शरतचंद्र शणै हांच्या "*अंतर्नाद* “ कविता संग्रहांतल्या वेंचीक कवितांचें अध्ययन.

**केरळांतलें कथानात्मक साहित्य :**

- कथनात्मक साहित्याचो नियाळ आनी वाटचाल.

- कोंकणी कथेचो प्रवाह, हेर शेजार भासांच्या संदर्भात.

- *कोंकणी अष्टक* (प्रतिनिधीक कथा संग्रह),“ *भांगरा दांत* “के. आर्. वसंतमणी

*आंतर आयामी* गोकुळदास प्रभु हांच्या वेंचीक कथाचें अध्ययन.

## 14 संदर्भ वळेरी:-


१. *केरळांतले कोंकणी साहित्य -एक परिचर्चा* - केरळ कोंकणी अकादमी. कोची १९९३

२. *गोडडें रामायण संपा. आर.के. राय, कोंकणी भाषा इन्स्टिट्युट, कोची, १९८९*

३. *कोंकणी विश्वकोश* - खंड १, गोंय विद्यापीठ, १९९१

४. *काण्यां घोस,* - कोंकण जनता , प्रकाशन, कोची, १९७९ .

५. Konkani Bhasheechi Chalvaleechi Ethihaik Paschothal Keralanthu - Purushottam Mallya.( कोंकणी भाषा प्रचार स्भा, कोंची .)

६. हरवें पान आनी पिक्लें पान - के. अनन्त भट. कोंकणी भाषा प्रचार स भा कोंची , १९९७.

७. *साहित्य संकलन* ,- सपा. शरदचंद्र शेणै, केरळ कोंकणी अकादेमी, १९९५.

८. *साहित्यचंपक*- संकलन- सुरेश ए. शणै, केरळ कोंकणी अकदेमी , १९९८.

९.. *कोंकणी लोकगी समुचय* ( केळ्), सं.एव.पुरुषोत्तम मल्ल्या, कोंकणी भाशा प्रचार सभा,१९९८.

१०. *हिन्दी और कोंकणी लोक साहित्य का तुलनात्मक अध्ययन* डॉ.. एल .सुनिताबाय , २०१०.

११. फुलां आनी कोळे - सारस्वत युथ असोसिएशन, कोची,१९९२.

१२.. साहित्यरत्न , संकलन सुरेश ए. शेणै, सरळ कोंकणी प्रकाशन , कोची २०००

१३. कथा, ८३ , ८४ , ८५ , केरळ कोंकणी अकादेमी , कोची, १९८६.

## KKO ' 208

### **कर्नाटकांतलें कोंकणी साहित्य** ( 2 Credits )

Konkani Literature from Karnataka.

ह्या पेपरात बेळगांव, कारवार, शिर्सी, चित्रापूर आनी मंगळूर वाटारांत निर्माण जाल्ल्या साहित्याचो अभ्यास जावचो .

**१.कर्नाटकांतल्या कोंकणी साहित्याची इतिहासीक फाटभूंय :**

- मंगळूर आनी हेर वाटारांनी कोंकणी भाशिकांचें स्थलांतर , ताचे फाटलीं कारणां आनी इतिहास.

- सुरवातेचो भाशीक आनी साहित्यीक वावर

- कर्नाटकातलें भक्ती साहित्य

- साहित्य निर्मणेंत कोंकणी नेमाळ्यांचो वांटो.

**२.कर्नाटकातलें कोंकणी काव्य : ( वेंचीक कविता शिकोंवच्यो )**

१) *कानडी माती कोंकणी कवी* -संपा.. प्रताप नायक, मार्ग प्रकाशन , पूणे, १९८४

२) *दिनकराल्यो कविता* ,दिनकर देसाय ,

३) *नवी व्हंकल* ,जे. बी. मोरायश ,

४) *प्रकृतीचो पावस* , मॅलवीन रॉड्रीगस ,

**३.कर्नाटकातली कोंकणी कथा : ( वेंचीक कथा शिकोवच्यो)**

१) *वोंवळां* - संपा..जयवंत कुलकर्णी (1935) ,दुसरी उजवाडावणी, सागर्दीप प्रकाशन , कारवार, १९९७.

**४.कर्नाटकांतलें कोंकणी नाटक : ( खंयच्याय एका नाटकाचो अभ्यास जावचो )**

१) *कौरवांलो कृष्णु* अथवा *सत्यव्रत कर्णु* - बैंदुर देवराय अय्यंगळ ,

२) *मागीरचें मागीर* , चा. फ्रा. डि' कोस्ता ,

**५.कर्नाटकांतलें कादंबरी लेखन :**

- इतिहासीक फाटभूंय.

- कादंबरी लेखनाचें खाशेलपण आनी सद्याचे म्हत्वाचे कादंबरीकार.

१) *देवाचे कुर्पेन खडाप* - Rego and sons, Bangalor, 1995

२) काळे भांगर -ऐडवीन जे..एफ. डिसौजा, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी गोंय ( खंयच्यांय एके कादंबरेचो अभ्यास जावचो)

**संदर्भ वळेरी:-**


१. History of Konkani Literature - M. L.Sardesai ,Sahitya Akademi , New Delhi , 2000

२. *जागरण* - खंड १, २, - पावलू मोरास ,

३. कोंकणी विश्वकोश-खंड -१ , सं . मनोहरराय सरदेसाय , गोंय विश्वविदयालय , १९९१

४. सोद - तोमास स्टिफन्स कोंकणी केंद्र , पर्वरी गोंय .

५. विश्व कोंकणी , विश्वकोंकणी सम्मेलन, मंगळूर - १९९५.

## III Semester

### KKC-301( 4 Credits )

**आर्विल्लें कोंकणी गद्य साहित्य** -Modern Konkani prose

आर्विल्ल्या कोंकणी गद्य साहित्याच्या अभ्यासक्रमांत आशिल्ल्या दर एका साहित्यप्रकाराची स्थूलमानान वळख ताच्या विंगड विंगड घटकांच्या आदारान दिवची. कोंकणीच्या संदर्भांत त्या साहित्यप्रकाराची सुरवात, परंपरा आनी विकास, हे फाटभुंयेर तो साहित्यप्रकार केळोवप्याची वळख दिवची त्या त्या साहित्यप्रकाराचो समिक्षात्मक नदरेंतल्यान अभ्यास जावचो.

अभ्यासाखातीर पुस्तकां :

1. **कथा**

   *बहुरत्ना वसुंधरा* - चंद्रकांत केणी. मडगांव , चंद्रकांत केनि सत्कार समिती, २००८.

2. **कांदबरी / नवलकाणी**

   - *दिका* , देविदास कदम ,मडगांव अस्मिताय प्रतिष्ठान , २००४,

3. **निबंद·**

   *समिधा* - रवीन्द्र केळेकार ,प्रियोळ जाग प्रकाशन, ,१९९६

4. **नाटक**

   चैतन्याक मठ ना , पुंडलीक ना. नायक, वळवय,अपुर्बाय प्रकाशन,१९९२.

**पुरवणी वाचन :**

1. *आमोरी अमुरपिकी* , रोमियो मिनेझिस, वळवय,अपुर्बाय प्रकाशन,२००५

2. सपन फुलां , मीना काकोडकर,

3. *अरेबियन डेज* , दत्ता नायक

4. *तीन दसकां* , संपा. चंद्रकांत केणी ,.वास्को -द -ग़ामा. व्ही.एम. साळगांवकार प्रतिष्ठान, १९९३.

ह्या अभ्यासक्रमाचो प्रकल्प वयर दिल्ल्या पुरवणी वाचनाचेर निंबून आसचो.

**संदर्भ वळेरी:-**


१. *रंगपाट* - पुंडलीक नायक , अपुर्बाय प्रकाशन , सावयवेरें, १९९२

२. *वेंचीक पुंडलीक* , संपा . राजू नायक आनी हेर , कोंकणी भाशा मंडळ , मडगांव, १९९९

३. *साहित्य सुवाद* , मनोहरराय सरदेसाय , राजहंस वितरण , पणजी १९९३

४. *आस्वादन* , हरिश्चंद्र नागवेंकार. गोंयकार प्रकाशन मडगांव, १९८७.

५. *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय* , संपा . श्याम वेरेकार आनी हेर ,कोंकणी भाशा मंडळ , मडगांव , २००३

६. कोंकणी साहित्य मंजरी , नदर आनी नियाळ , प्रियदर्शिनी ताडकोडकार, केदार प्रकाशन गृह , २००५

७. *मराठी कांदबरी : चिंतन आणि समिक्षा, चंद्रकांत बंदिवादेकर, मेहता पब्लीशींग हाउस, पूणे, १९८३.*

## KKO - 302 ( 4 Credits )

भास संपर्क आनी भोवभाशीकताय - कांय मुद्दे

## Issues in Language Contact and Multilingualism

१. **भास आनी समाज -** नातें ; सपीर आनी वोर्फ हांणी मांडिल्लो भाशीक सापेक्षतायेचो सिद्धांत ; भाशेच्या वापराचें 10 hrs.

व्याकरण Communicative Competence) ; समाजभासविज्ञान आनी भाशेंचे समाजशास्त्र - वेगळेपण ;एकभाशीकताय, द्विभाशीकताय , भोवभाशीकताय .

**भास संपर्क म्हळयार कितें ? भास संपर्काचे परिणाम -** उश्णो वेव्हार( Borrowing) भास - भरसप 15 hrs.

( Code Mixing) , भास- बदलप ( Code Switching , तिनां भितरलें वेगळेपण.

उश्णो वेव्हार( विस्तारान अभ्यास) भास उतरां उश्णीं कित्याक घेता

उश्णी उतरां भास कशी आपणायता , उश्ण्या उतरांच्यो तरा - सांस्कृतीक उश्णो वेव्हार आनी सांस्कतीक आंवाटा भायलो उश्णो वेव्हार ( Cultural Borrowing & Intimate Borrowing , कोंकणीच्या संदर्भांत उश्ण्या उतरांचो अभ्यास.

२. स्लँग आनी वेवसायीक उतरावळी.

३. पिज्जीन आनी क्रियोल भासो. पिज्जीन भास कशी जल्मा येता, पिज्जीन क्रियोल केन्ना जाता.मुंबयचे 'बाजारी हिंदी' चो अभ्यास.

४. भास आनी बोली : इतिहासीक, थळाव्यो आनी सामाजीक बोलयो , प्रमाण बोली.

५. भाशाद्वित्व (डायग्लॉसिया) - प्रमाणीकरण आनी भाशाद्वित्व : वेगळेपण - उतर मध्य भारतांतलें भाशाद्वित्व- कोंकणीच्या संदर्भांत भाशाद्वित्वाचो अभ्यास.

६ . भाशीक नियोजन - वेगेळी वेगळी आंगा .

. - भाशीक प्रमाणी करपाचो भाशीक नियोजनाच्या संदर्भांत विचार आनी अभ्यास..

७. स्वतंत्रतायेचे चळवळी संदर्भांत वयर सरिल्लो भाशाविचार ( महात्मा गांधी. , काका कालेलकर ,राममनोहर लोहिया )

**संदर्भ वळेरी:-**


१. ' भास आनी समाज ', माधवी सरदेसाय ,जाग - जुलै 2000, पानां 14-16.

२.' उश्णीं उतरां '( चार वांट्यांनी आयिल्लें बरप ) , माधवी सरदेसाय, जाग, ऑगस्ट 1999; पानां 13-15 ;

सप्टेंबर 1999 पानां 16-18, ऑक्टोबर 1999 पान 18 ; डिसेंबर 1999 पानां 12-14.

३.डायग्लॉसिया '( चार वांट्यांनी आयिल्लें बरप ) ' माधवी सरदेसाय, जाग, जानेवारी 2000 पानां 14 -16; फेब्रुवारी

2000 पानां 10-12; मार्च 2000 पानां 10 -11, एप्रील 2000 पानां 18-21.

४. 'पिज्जीन आनी क्रियोल भासो ' - माधवी सरदेसाय, जाग, जून 2000 पानां 15-17.

५. ' धारावींतली बाजारी हिंदी ', माधवी सरदेसाय, जाग, मे 2000 पानां 11-15.

६. *भासाभास* - माधवी सरदेसाय, जाग प्रकाशन 1993.

७. भासविज्ञानाचे नदरेन कोंकणीचो अभ्यास आनी प्रमाणीकरण - प्रताप नायक. सोद-1 तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केन्द्र, नोव्हेंबर 2000, पानां 3-17.

८. *भोवभाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र* - रवीन्द्र केळेकार, मडगांव : कोंकणी भाशा मंडळ, 1974.

९. जाग आनी सोद नेमाळ्यांनी उजवाडा आयिल्ले क्षेत्र कामाचेर ( फिल्ड वर्कचेर) आधारिल्लें वेंचीक लेख.

१०. *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र*- रवीन्द्र केळेकर, पणजीः राजहंस वितरण; २००

११ .Sociolinguistics: An Introduction , Peter Trudgill, Penguin Books ,1974.

१२. An Introduction to Sociolinguistic - Ronald Wardhaugh, Basil Blackwell ,1986.

१३. Handbook of Sociolinguistics - ed. Florian Coulmas Blackwell 1997.

१४. Revisualizing Boundaries - A Plurilingual Ethos - Lachman M. Khubchandani,

Sage Publications, 1997

१५. Managing Multilingualism in India : Political and Linguistic Manifesations- E . Annamalai, New Delhi : Sage Publication 1997.

## KKC -303( 4 Credits )

### **साहित्याचें समाजशास्त्रीय अध्ययन** - Sociological Study of Literature

१) समाजाची संकल्पना

२) समाजशास्त्राचो अर्थ आनी व्याख्या

३) समाजशास्त्रीय अभ्यासाची इतिहासीक फाटभूंय

४) समाजशास्त्राचो हेर शास्त्रां कडेन आशिल्लो संबंद

५) मार्क्सवाद आनी समाजशास्त्र

६) भारतीय समाज आनी ताची जडण - घडण

७) साहित्याचें समाजशास्त्र

८) भारतीय साहित्यांत पडबिंबीत जाल्ली समाजजीण

९) वेंचीक कोंकणी ( खंयच्योय दोन) कादंब-यांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास

**संदर्भ वळेरी :**


१) *समकालीन भारतीय समाजशास्त्र* - व्ही. एन. गजेन्द्रगड , . व्ही.एस. मादलकर, फडके प्रकाशन , कोल्हापुर, 2000.

२) *मार्क्सवादी साहित्यविचार*- केशव शिरवाडकर, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, विजयानगर, पुणे , 1980

३) नवसमीक्षा ( काही विचार प्रवाह)- संपादक गो. मा. कुलकर्णी, मेहता पब्लिकेशन. पुणे- , 1982.

४) मराठी कादंबरी : समाजशास्त्रीय समिक्षा, रवींद्र ठाकूर, दिलीपराज प्रकाशन, पुणे, २००७.

५) १९६० नंतरची सामाजिक स्थिती आणि साहित्यांतलें नवे प्रवाह, आनंद यादव, मेहता पब्लिशिंग हाऊस, पुणे, २००१.

६) *मार्क्सवाद आणि मराठी साहित्य* -वि .स. जोग, विजय प्रकाशन , नागपूर, १९८१ .

*७) साहित्याचे सामाजिक व सांस्कृतिक अनुबंध*- म. सु. पाटील, शब्दालय प्रकाशन, श्रीरामपूर , २००१

*८) अन्तिम दशक के हिन्दी उपन्यासो का समाजशास्त्रीय अध्ययन ,* गोरखनाथ तिवारी, अन्नपूर्णा प्रकाशन , कानपूर

९) *साहित्य के समाजशास्त्र की भूमिका ,* मैनेजर पाण्डेय, हरियाणा साहित्य आकादेमी , चण्डीगढ ., १९८९.

१०) *साहित्य का समाजशास्त्र* - नगेन्द्र, नेशनल पब्लिशिंग हाऊस, नई दिल्ली

११) *सामाजिक मानवशास्त्र* - डॉ. विलास संगळे, पॉप्युलर प्रकाशन, १९६९..

१२*) उपन्यास का समाजशास्त्र* ,- एस.आर.गुप्ता, सीता प्रकाशन, उत्तर प्रदेश, १९९५.

१३) मार्क्सवाद और साहित्यलोचन, , टेरीईगलटन, ( अनुवाद- वैभव सिंह ) आधार प्रकाशन पंचकुला (हरियाणा) २००६

## KKC - 304 ( 4 Credits)

### पाश्चात्य काव्यशास्त्रैं - Western Poetics

1. **पाश्चात्य काव्य-शास्त्र : विकास क्रम :-**

- ग्रीक काव्यशास्त्र - रोमी काव्यशास्त्र

-अधंकार - युग - पुनर्जागरण युग

-नव्यशात्रवादी युग - स्वच्छंदतावादी युग

-आधुनीक आलोचना धारा.

2. **प्लेटो :- 427 ई.पू. - 347 ई.पू.**

- काव्य सत्य - अनुकरण - काव्य सृजन प्रक्रिया

- देणगी - प्रासंगिकता

- एथेन्साचो इतिहास आनी प्लेटो विचार.

3. **ऍरिस्टॉटल :- 384 ई.पू - 320 ई.पू.**

- काव्य उद्‌भव

- काव्य अनुकरण, पूण फोटोग्राफ न्हय.

- सिद्धांत - समिक्षा

- ट्रेजेडी, कॉमेडी, विवेचन ( आरेख - chart)

कथानक आनी ताची आंगां

-ट्रेजेडी आनी आनंद

- विरेचन सिद्धांत

- अर्थ - व्याख्या, समिक्षा

- ट्रेजेडी आनी महाकाव्य - भेद

-प्लेटो विचारांचो खजिनो - ऍरिस्टॉटल मस्तिष्क...

**4.लोंजाइनस :- पयलें वा तिसरें शतमान**

- पूर्व काव्य सिद्धांत.

- उदात्त स्वरूप ( आरेख)

- अंतरंग आनी बहिर्रंग तत्वां

- अवरोधक तत्वां

- देणगी

- आपल्या काळांतलो क्रांतिकारी कवी.

**5. विलियम वर्डसवर्थ : ई. स १७७०-१८५०**

- काव्य परिभाषा - काव्य गूण - काव्य प्रयोजन

- काव्य - भास - कॉलरिज- वर्डसवर्थाचो समकालीन

**6.सैम्युअल टैलर कॉलरिज :-ई. स १७७२-१८३४**

- काव्य परिभाषा

- काव्य कल्पना - मूळ विचार

- मुख्य कल्पना विशिष्ट कल्पना - काव्य आनी कल्पना.

**7.मैथ्यू आर्नोल्ड :- ई. स १८२२-१८८९**

- आलोचक आनी आलोचना

- आलोचकीय गूण२४

**8. बेनेदेत्तो क्रोचे :-ई. स १८६६-१९५२**

- आत्म्याच्यो दोन क्रिया - सिद्धांतीक आनी वेव्हारीक .

- सहजज्ञान.

- सहजज्ञान आनी प्रत्यक्ष ज्ञान एक न्हय.

**9.टी. एस . एलियट :- ई. स १८८८-१९६५**

- क्लासिकवाद - क्लासिक कोण?

- कला आनी निर्वैव्यक्तिकता - कवितेचे तीन स्वर - आंतर संबंध.

- आय. ए. रिचर्डस :- १८८९-१९७९ ई. स

- मनोवेग दोन - स्तर( कोटि) एषणा - द्वेष

- मूल्य म्हळ्यार कितें ? मोल आनी मूल्य भेद आनी आंतरसंबंध -काव्य मूल्य काय मोल?( कोंकणी संबंधान विचार ) .

10. **संप्रेषण सिद्धांत:--** दोन दोष - मूल्य विवेक - संप्रेषण विवेक

**संदर्भ वळेरी :**


१) *पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत* , - डॉ. किरण बुडकुले , राजहंस वितरण, पणजी, १९९८.

२) *पाश्चात्य काव्यशास्त्र* - डॉ. चंद्रलेखा

*३) पाश्चात्य काव्यशास्त्र की परंपरा* - डॉ. नगेन्द्र

४) *पाश्चात्य काव्यशास्त्र* - शांतिस्वरूप गुप्त

५) *आलोचना के आयाम* - डॉ. बच्चनसिंह

६) *पाश्चात्य काव्यशास्त्र* - डॉ. निर्मला जैन

७) *आलोचना के तीन आयाम* - डॉ. रमेश तिवारी

८) पाश्चात्य काव्यशास्त्र - सिध्दांत और वाद, डॉ नगेन्द्र,

९) आरस्तू का काव्य शास्त्र, - डॉ. नगेंद्र, भार्ती भंडार, अलअहबाद,

## KKC-305 ( 4 Credits)

**कोंकणी कादंब-यांचो खाशेलो अभ्यास** - Special Study of Konkani Novels

१) कादंबरी :

अ) व्याख्या आनी स्वरुप

ब) घटक आनी प्रकार

२) **कोंकणी कादंबरी साहित्याचो इतिहास :**

कोंकणी कादंबरीची इतिहासीक फाटभूंय

- (देवनागरी, रोमी आनी कन्नड लिपयेंतल्यो कादंबरीच्या संदर्भांत)

गोंय मुक्ततायेपयलीची कोंकणी कादंबरी

- गोंय सुटके उपरांतचे कोंकणी कादंबरीचें स्वरुप
- कोंकणी कादंबरीची सद्याची स्थिती आनी मुखावेली आव्हानां

३) **कोंकणी कादंबरीचेः विशय स्वरुप :**

ग्रामीण जीवन संघर्ष

- उद्देगीकरण आनी बदलतें समाज मन
- बायलांचेची जीण
- मध्यमवर्गीय समाज आनी तांचे प्रस्न
- नव्यो जाणिवो

४) **कोंकणी कादंबरीतली भास :**

- लेखकांची लेखन शैली

- समाजभास, विविधताय आनी तिचीं खाशेलेपणां

५) **खंयच्याय दोन कादंब-यांचो अभ्यास जावचो** :

१) क्रिस्तांव घराबो - एदुआर्द जुझे ब्रुन द सौज, गोवा कोंकणी आकादेमी. २०१०

२) काळे भंगर - एडवीन जे. एफ. डिसौजा, गोवा कोंकणि अकादेमी, पणजि , २०११

३) कार्मेलीन - दामोदर मावजो , जाग प्रकाशन, १९८१

४) हावठण - महाबळेश्वर सैल , बिम्ब प्रकाशन

५) समर्पण - नं. ध. बोरकार , बिम्ब प्रकाशन

**संदर्भ वळेरी :**


१) संवसारीक कथा वाड.मयाच्या संदर्भांत - कोंकणी कादंबरी , किरण बुडकुले, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय- २००३

२) A History of Konkani Literature, Dr.Manohar Rai Sardessai, Sahitya Akademi, New Delhi, 2002.

3) " गुणाजीचें कायारुप : काय प्रस्न ", बाळकृष्णजी कानोळकर, क्षः समिक्षेचो, परा-प्रतिमा प्रकाशन ,२००८ पानां ६४-७०.

४) समकालीन कोंकणी कादंबरी - हेमा नायक, कोंकणी दिवाळी अंक, २००७.

५) कोंकणी नवलकाणयेतलो बायल मनशेचो आवाज , माधवी सरदेसाय , जाग - दिवाळी, २००९.

६) दोन वाटचि-यांच्या संदर्भांत कोंकणी कादंबरी , किरण बुडकुले , कुळागर दिवाळी , १९९७.

७) गोंयचे कोंकणी नवलकाणयेंत अस्तुरेची सुवात, दामोदर मावजो, , सृजन नोव्हेंबर/डिसेंबर १९९८.

८) वेंचीक समिक्षा आयामांतल्यान काळी गंगा , किरण बुडकुले, सोद टॉमस स्टीवन्स कोंकणी केंद्र , परवरी

९) काळी गंगा कादंवरीतलें वास्तव दर्शन, प्रकाश पर्येकार, सोद, टॉमस स्टिवन्स कोंकणी केंद्र परवरी.

१०) मराठी कादंबरी ( पहिले शतक १८५०-१९५० ) , कुसुमावती देशपांडे , मुंबई मराठी साहित्य संघ प्रकाशन , दुसरी आवृत्ती- १९७५

SEMESTER-IV

## KKO-401 (  4 CREDITS)

कोंकणी लोकवेद  - **Konkani Folklore**

1. **लोकवेद व्युत्पत्ती आनी व्याख्या :**

-वेगवेगळ्या भासांनी लोक आनी वेद ह्या सज्ञांची व्युत्पत्ती, फाटभूंय आनी व्याख्या, अलन डंडस,ना.गो. कालेलकर आनी मारीया लीच.

- पाश्चात्य आनी भारतीय अभ्यासकांनी लोकवेद हे संकल्पनेची केल्ली व्याख्या :ऑरिलिओ एस्पिनोझा,जॉन बॅलेस आनी  डॉ. संत्येंद्र.

2. **लोकवेदाच्या अभ्यासाचो इतिहास :**

- पाश्चात्य देशानी जाल्लो सुरवेचो वावर.

- भारतांत लोकवेदावेल्या वावराची सुरवात ; भारतांत अस्तती विद्वानांनी केल्लें काम.

- गोंयांत लोकवेदाचो जाल्लो वावर.

3. **लोकवेदाच्यो विशेशतायो आनी खाशेलपणां :**

- लोकवेदाचें म्हत्व.

- लोकवेद आनी सामाजीक वेवस्था.

- लोकवेद आनी मानववंशशास्त्र.

- आयच्या काळांत लोकवेदाचें म्हत्व.

- लोकवेद आनी लोकसंस्कृताय.

**4. कोंकणी लोकवेदाचे म्हत्वाचे प्रकार :**

- लोकनाट्य : रणमालें, जागोर आनी खेळ.

- लोकनाच : गोफ, तालगाडी, फुगडी, धालो, मोरुलो, मुसळनाच , चप्पय( धनगरनृत्य ) आनी घोडेमोडणी.

- लोकगितां : आल्लय, मांडो - दुल्पदां, लग्नगितां आनी पाळणेंगितां.

- लोकांकाणयो : भारतीय लोकथेची परंपरा, कोंकणी काणयांचें खाशेलपण. मिथककाणी, आख्यायिका आनी कल्पीतकाणी.

**5. लोकवाद्यां : धोल, तासो, घुमट, समेळ, झांज, कांसाळें, म्हादाळें.**

**6. लोकांखेळ, म्हणी, ओपारी आनी हुमाणीं.**

झाडां , पेडां, फुलां फळां, भेस अलंकार, खाणां जेवणां हांचोय गोंयचे लोकसंस्कृतायेच्या संदर्भांत अभ्यास जावचो.

**टीप : लोकवेदाच्या प्रकारांक धरुन विद्यार्थ्यांची अभ्यासभोंवडी घडोवन हाडची.**

**संदर्भ वळेरी:-**


1. *आमोणें : एक लोक जीण* , जयंती नायक , गोवा कोंकणी अकादेमी ,पणजी गोंय.

2. *लोकबिंब* , जयंती नायक, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी गोंय. १९९८.

3. *कोंकणी लोककाणयो* , संकलन आनी संपादन - जयंती नायक , साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली ,

4. *कोंकणी म्हणी सागर* , मनोहर पै धुंगट , गोवा कोंकणी अकादेमी, २००३.

5. *माटोळी* , सं. भुषण भावे २००५ ,

6. *Konkani Oparinchem Bhandar* - Antonio Pereira ,Gulab Publications, 1985.

7. *काणकोणची लोककला :* एक दायज - अजीत पैंगीणकार.

8. *कोंकणी लोकगीत* , एन्. पुरुषोत्तम मल्ल्या , १९९८

9. *लोकरंग ,* जयंती नायक, राजाई प्रकाशन, २००८

10. *लोकमंथन ,* जंयती नायक, राजाई प्रकाशन, २००८

11. *Folk Dances of Goa ,* Vinayak Khedekar, West Zone Cultural Centre Udaiour,

## KKO-402 (   2 Credits )

### व्हेव्हारीक कोंकणी ( मुद्रण आनी संपादनाच्या संदर्भात)

### Functional Konkani(  with refedrence to printing and editing)

1) कोंकणी शुद्धलेखन देवनागरी कोंकणी बरपाचो इतिहास , विकास आनी चालंत शुद्धलेखनाचे नेम

2) प्रूफ रिडिंग

3) प्रतींचे संपादन छापपा खातीर आयिल्ल्या (Copy editing बरपाचेर संपादकिय संस्कार कशे करप.

## KKO - 403 (   2 Credits )

**साहित्यीक कोंकणी भास आनी भास घडोवपी**

## Literary Konkani and Makers of Literary Konkani

**फाटभूंय :** कोंकणी साहित्याचो भुगोलीक विस्तार आनी वेगळ्या वेगळ्या संदर्भात कोंकणी साहित्याचो उदेव, कुडक्या कुडक्यांनी शिंपडिल्लो कोंकणी समाज एकठांय हाडपाचो वावर ( शणै गोंयबांब आनी माधव मंजुनाथ शानभाग)

वयर दिल्ले फाटभुंयेचेर सकल दिल्ल्या कोंकणी म्हालगड्यांचे कोंकणी विशींचे भुमिकेचो विस्तारान आनी बारीकसाणेन अभ्यास. तांचो कोंकणी साहित्याचेर आनी समाजाचेर आशिल्ल्या प्रभावाचोय अभ्यास जावचो.

१. एदुआर्द जुझे ब्रूद द सौज

२. मों. सेबाश्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद

३. फा. आंजेलुस फ्रांसिश्क शाव्हिएर माफेय

४. शणै गोंयबाब

५ ज्योकीं आंतोन फेर्नांदीश

## KKO - 404 ( 4 Credits )

### **आधुनिक कोंकणी काव्य** - Modern Konkani Poetry

कोंकणी कवितेची सुरवात , तिचो विकास आनी सद्याची स्थिती , हांचें विश्लेशण नेमून दिल्ल्या कविता झेल्यांच्या आदारान जावंचें हातूंत काव्य , महाकाव्य , गीतिकाव्य विर्शी शिकोवन मागीर कोंकणी कवितेकडेन येवचें.

1. **काव्य म्हळयार किते?**

- भारतीय मानदंड - पाश्चात्य मानदंड.
- कवी कित्याक बरयता ?
- काव्य आनी आधुनिकता.
- काव्य आनी समाज.
- काव्य तत्वां - अनुभूति पक्ष, अभिव्यक्त पक्ष
- वस्तु आनी रुप - संबंध
- कोंकणी काव्य - काव्य बिंब - प्रतीक.

2. **महाकाव्य**

- भारतीय आनी पाश्चात्य मानदंड
- संवसारीक साहित्य महाकाव्यांचीं चार रुपां
- महाकाव्य: रुप विधायक तत्वां
- येवरोपात - महाकाव्याचो विकास
- Epic in Prose.

- महाकाव्य आनी Epic : तुलना

- Epic in Prose श्रेष्ठ कित्याक ?

3. **गीतिकाव्य ( लिरीक)**

- इतिहास - वेद - गीतात्मकता

- पाश्चात्य विद्वानांचें मत

- गीतिकाव्य : तत्वां

- गीतिकाव्य : वर्गीकरण

**पाठ्य पुस्तकां**

1.**अठरा जून** - मनोहरराय सरदेसाय

2.**चांफेल्ली सांज** - पांडुरंग भांगी

3.**घननीळ** - विजयाबाय सरमळकार

4.**व्हांवती न्हंय काळाची** - प्रकाश पाडगांवकार

पुरवणी वाचन:-

1. **ब्रह्मकमळ** - शंकर रामाणी.

2. **काळजांतले घाय** - युसुफ शेख.

3. **चंद्रावळ** - र.वि.पंडित कोंकणी भाशा मंड्ळ, मुंबय, १९६३

4. **किरवंट** - जेस. फर्नांन्डीस.

5. **जीण जाली कस्तुरी -** नूतन साखरदांडे.

6. **गीतोत्सव** - हरदत्त खांडेपारकर.

7. **काव्यसूत्र** - काशिनाथ शांबा लोलयेकार.

8. **दर्या** - रमेश वेळुस्कार. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी, २००८.

**संदर्भ वळेरी:-**


1. **दर्या गाजोता** - जे. स. स्वामि सुप्रिय.

2. **स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कविता** - संपा. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय.

3. **आस्वादन** - हरिश्चंद्र नागवेंकार , गोंयकार प्रकाशन, मडह्गांव , १९८७.

4. **साहित्य सुवाद -** डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, राजहंस- वितरण, पणजी, १९९३

5. **साहित्य नियाळ अंतरंग आनी कायारुपां** - डॉ. किरण बुडकुले.

6. **काव्य रुपों के मूल स्त्रोत और उनका विकास -** डॉ. बच्चनसिंह.

7. **हिंदी साहित्य कोश** - संपा. धीरेन्द्र वर्मा , १९८६

8. **साहित्याचे तत्वज्ञान** - वि. ना.ढवळे ,

9. On Poetry and Poets - T. S. Eliot ,

10. Dictionary of Literary Terms - Harry Shaw ,

11. Selected Essays - T.S. Eliot ,

12. Studies in the History of Sanskrit Poetics - S. K. De,

13. **साहित्यिक पारिभाषिक शब्दकोश** - महेन्द्र चतुर्वेदी, तारकनाथ बाली ,

## KKO- 405 (2 Credits)

### सर्जनशील लेखन - Creative Writings

**१. लेखनाचो उद्देश**

- लेखनाचो हेतू

- सर्जनशील लेखना फाटली जेश्ट लेखकांचीं मतां

- साहित्याचे प्रकार, ताचे म्हत्व आनी गरज

- लेखनकलेची साधना

**२. - लेखकाची जडण घडण** :

- संवेदनशिलता, अणभव आनी अनुभुती - वाचन , चिंतन आनी मनन

- वेंचीक साहित्य प्रकाराच्या घटकांचो अभ्यास

३. **लेखन प्रक्रिया :**

- वास्तव जीवन आनी कल्पकता

- तथ्य एकठांय करप

- विशय आनी पात्रांचो अभ्यास

- कथानक, घटणा आनी प्रसंगाची मांडावळ

- प्रत्यक्ष लेखन ताची निवळावणी आनी चर्चा

- उजवाडावणी

- वाचक आनी समिक्षकाची प्रतिक्रिया

**संदर्भ वळॉरी :**

1. ***वेळे वयल्यो घुलो*** - रवीन्द्र केळेकार, जाग प्रकाशन , दु . आ. 2007.

2. ***सर्जकाची आंतरकथा*** - रविन्द्र केळेकार, जाग प्रकाशन, 2000.

3. **कथांची बियां - जीं किल्ललीच ना !** चंद्रकांत केणी, कुळागर दिवाळी अंक १९८५

4. ***उदरगत आनी पर्यावरण*** **-**: साहित्यिकाची लागणूक- प्रकाश पर्येंकार- जाग ,जून २००७

5. ***भोवप्रवासी साहित्यकार*** - दामोदर मावजो , जाग ,दिवाळी- नातलां अंक ,२००९

6. ***जॉर्ज ऑर्वेल*** **-** माधव बोरकार, कुळागर फेब्रूवारी १९८४

7. ***म्हजें साहित्य*** - रवीन्द्र केळेकार , कुळागर ,जुलय १९८४.

8. ***म्हजे कवितेची काणी*** - र. .वि. पंडित , कुळागर सप्टेंबर १९७९.

9**.** ***कुळागर*** **-** संपा.. हेमा नायक , अंक १२, डिसेंबर १९९७.

10. **कादंबरी : विवेचन आणि विश्लेषण** - बालशंकर देशपांडे, स्नेहवर्धन पब्लिशींग हाऊस पुणे, १९९८.

11.**साहित्य निर्मिती हावेसान बांदून घेवया**- पुंडलिक नायक (लेख पान नं १२/१४)कोंकण टायम्स ,जानेर-मार्च -२००३.

## KKO - 407 (  2 Credits )
## KONKANI TIATRO

कोंकणी तियात्राची वळख आनी खाशेलपणा विद्यार्थ्यांक समजुपाक ह्या अभ्यासक्रमाची मजत जांवची.

1 . कोंकणी तियात्राची सुरवात.

- तियात्र आनी लोकनाट्य हांचो संबंद,

- तियात्राची व्याख्या - तियात्र प्रकार

- तियात्राचें स्वरुप आनी घटक.

2. तियात्रांतले पड्डे आनी कांतारा

- कोंकणीतले मुखेल तियात्रिस्त .

- फार्स आनी तियात्र : तुलना

- तियात्राचें वाङ्मयीन मोल.

**संदर्भ वळेरी :**


1. कोंकणी तियात्राचों इतिहास - प्रकाश थळी , गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी,

2. Tiatrists - आलेक्स फॅर्नांदीश ,

3. तियात्रांचो झेलो - 1 आनी 2 - संपा- तोमाझिन कार्दोस , गोवा कोंकणी अकादमी , पणजी गोंय.

## KKO - 408 (  2 Credits)

### ग्रामीण साहित्य -   Grammin Sahitya

**१ )   ग्रामीण साहित्याची संक्ल्पना आनी स्वरुप**

- ग्रामीण साहित्याची संकल्पना

- साहित्याचें स्वरूप

- साहित्याचें म्हत्व

**२) ग्रामीण समाज आनी वास्तव रुप**

- ग्रामीण जीणेची खाशेलपणा

- ग्रामीण जीण आनी वास्तववाद

- ग्रामीण वृत्ती आनी मनोवृत्ती

**३) ग्रामीण व्यक्ती आनी परिवेश**

- ग्रामीण व्यक्ती आनी अविश्कार

- ग्रामीण लोकमानस आनी परिवेश

- लोकवेवसाय आनी लोकसंस्कृती

- आधुनिकीकरण आनी वैश्वीकरणाचो प्रभाव

- धर्म ,जात आनी तांची भास

**संदर्भ वळेरी :**


१) ग्रामीण कथा स्वरूप आनी विकास - डॉ. वासुदेव मुलाटे, साहित्य सेवा प्रकाशन , औरंगाबाद.

२) ग्रामीण साहित्याच्या इतिहास - चंद्रकुमार नलगे.

३) ग्रामीण साहित्य आनी वास्तव - आनंद यादव

४) ग्रामीण साहित्य : स्वरूप आनी समस्या - आनंद यादव

५) ग्रामीण साहित्य चळवळ आणि आम्ह्‌ - वासुदेव मुलाटे.

६) ग्रामीण साहित्य स्वरुप आणि शोध -नागनाथ - कोतापल्ले

७) ग्रामीण साहित्य प्रेरणा आणि प्रयोजन - श्रीराम गुंदेकर

८) ग्रामीण साहित्य आनी संस्कृती - मोहन पाटील.

९) मराठी ग्रामीण कादंबरी ( इ.स.१८८०-१९९०) - रविंद्र ठाकुर, मेहता पब्लिशिंग हाउस पुणे. १९९३

१०) मराठी ग्रामीण साहित्य परिसर आनी प्रवाह - जी. कुलकर्णी.

## KKO - 409 (  4 Credits

### समिक्षक आनी समिक्षा विचार - Critics & Criticism

१. समिक्षेची परिभाषा

- समिक्षेचे प्रकार :

- समिक्षक आनी सहित्य.

- बरो समिक्षक कोण ?

- समिक्षा कर्म आनी समिक्षक.

१. आत्मप्रधान वा प्रभावात्मक.

२. सैद्धांतिक.

३. शास्त्रीय.

४. व्याख्यात्मक .

५. तुलनात्मक.

६. मनोवैज्ञानिक.

७. ऐतिहासिक.

८. भारतीय समिक्षा पद्धती.

२..कोंकणी साहित्य आनी समिक्षा इतिहास.

·स्वामी सुप्रिय - दर्या गाजोता.

लक्ष्मणराव सरदेसाय - कथाशिल्प.

- डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार - आस्वांदन

·आयज कोंकणी साहित्य अंतर्गत समिक्षेची स्थिती.

**Assignments on- Review of the Konkani Books.**